प्रादेशिक खबरो 18.12.2025 @ 7.20 PM

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या

जिल्हो पंचायत वेंचणुके खातीरचो जाहीर प्रचार आयज सकाळी 8 वराचेर सोपलो.

मनोहर पर्रीकर विज्ञान महोत्सवाची सातवी आवृत्ती घडोवन हाडली

गोवा मराठी अकादमी आनी रविंद्र भवन साखळी हांणी जोडपालवान जावपी 'सृजनसंगम २०२६' ह्या युवा महोत्सवाची कार्यावळ जाहीर जाल्या.

DIP 100

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्र्यान गोंय मुक्ती खातीर त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या उगडसाक आर्गां ओपून राज्य सरकार स्वातंत्र्य, अभिमान आनी एकात्मतेची मुल्यां सांबाळून दवरपाक कटीबद्द आशिल्ल्याचें म्हणला. गोंय मुक्ती दीस हो फकत स्वातंत्र्य खातीर केल्ल्या आमच्या इतिहासीक चळवळीच्या उगडासाचो दीस न्हय, जाल्यार गोंयान मानवी प्रयत्नांच्या मळार केल्ली उदरगत, सलोखो आनी सांस्कृतीक दायजाचो उत्सव आसा. गोंयच्या प्रत्येक नागरिकान राज्याचो विकास आनी भरभराटी खातीर योगदान दिवन आपले दायज आनी परंपरा सांबाळून दवरपाचो उलो मुख्यमंत्र्यान मारला. गोंयच्या लोकांनी राज्याच्या शाश्वत विकासा खातीर योगदान दिवन गोंयांक स्वयंपूर्ण राज्य करपाच्या सरकारच्या प्रयत्नांक हातभार लावपाचेय आवाहन मुख्यमंत्र्यान केला.

गणेश

जिल्हो पंचायत वेंचणुके खातीरचो जाहीर प्रचार आयज सकाळी 8 वराचेर सोपलो. जिल्हो पंचायतीच्या वट्ट 50 मतदार संघां खातीर 20 डिसेंबराक 8 लाख 69 हजार 356 मतदार मतदान करतले. सोमारा 22 डिसेंबराक मतमेजणी जातली. उत्तर गोंयांत मतदाना खातीर 658 जाल्यार दक्षीण गोंयांत मतदाना खातीर 626 मतदान केंद्रां आसा. जाहीर प्रचार सोपिल्ल्यान वेंचणुकेतले उमेदवार आता

व्यक्तीगत प्रचाराचेर भर दितले. उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत वेंचणूकेचो मतदान दीस म्हूण सरकारान 20 डिसेंबर राज्यांत भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

RASHMI

विज्ञानाचो उपेग नव्या आधुनिक काळात उप्रासपी प्रस्न सुटावे करपाक, समाजातल्या गरजु घटकांक मजत आनी तांची उदरगत करपी नव्या ॲप वा यंत्रणेच्या माध्यमातल्यान जावप गरजेचे अशे मत नामनेचे विज्ञानिक आनी भारतीय अणु उर्जा आयोगाचे आदले अध्यक्ष डॉ. अनिल काकोडकार हांणी व्यक्त केला.हे जावपा खातीर देशातल्या नव्या पिळगेमदी विज्ञानाची गोडी तयार जावन विज्ञान मळाची उदरगत जावप गरजेचे आसा अशे मत तांणी ह्यावेळार व्यक्त केला. मनोहर पर्रीकर विज्ञान महोत्सवाच्या सातव्या आवृतीच्या कार्यावळी वेळार ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

अंदु ह्या महोत्सवात 19 नामनेचे तज्ञ वैज्ञानिक 19 सुवातींचेर 2500 विद्‌यार्थ्यांक विज्ञाना वीशी,नवे संशोधन,घडामोडी हे वीशी मार्गदर्शन करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.विज्ञानावीशी आर्कशण, रूची तयार करून विज्ञान मळावेली नवी पिळगी घडोवपाक हो महोत्सव महत्वाची भुमिका साकारता अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

ह्यावेळार ISRO चे आदले अध्यक्ष डा. कीरण कुमार हांचे isro वीशी म्हायती दीवपी उलोवप जाले .तांच्या उपरांत अणु उर्जा आयोगाच्या कामावीशी म्हायती दीवपी डा अनील काकोडकार तशेंच तंत्रगिन्यान,यंत्रणा आनी माखनाचो उपेग हे वीशी indian institute of science चे सह प्राचार्य डा. साई गौतम गोपालकृश्णन हांचे बीजभाशण जाले.
ह्यावेळार डा.साई गौतम गोपालकृश्णन हांका अंदु वर्साचो मनोहर पर्रिकार युवा संशोधक पुरस्कार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी भेटयलो.

ह्या कार्यावळीक राज्यातल्या वेगवेगळ्या म्हाविद्यालय आनी शाळांचे वाद्यार्थी हाजीर आशील्ले. ही कार्यावळ गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान तशेंच कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या जोडपालवान पणजे दोनापावला हांगच्या राष्ट्रीय समुद्रविज्ञान संस्थेच्या सभाघरात घडोवन हाडील्ली.

DIP

उत्तर गोंय जिलो परिषद आनी दक्षिण गोंय जिलो परिषद हांचे खातीर मतदान आनी मतां मेजपाच्या दिसा 19 20 आनी 22 डिसेंबराक नगरपालिका वाठार आनी पणजी नगरपालिका म्हामंडळ सोडून गोंय राज्यांतल्या उत्तर गोंय जिलो परिषद आनी दक्षिण गोंय जिलो परिशदेच्या अधिकारक्षेत्रांतल्या वाठारांनी सगळ्यो परवानो आशिल्लीं सोऱ्यांचीं दुकानां बंद दवरची अशें राज्य सरकारान निर्देश दिला.पूण 'बार आनी रेस्टॉरंट' म्हूण परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत जेवण दिवपा खातीर रेस्टॉरंट उक्तें दवरपाची परवानगी आसूं येता, पूण बार काउंटर बंद उरतलो आनी ह्या दिसांनी खंयच्याय प्रकारचो सोरो दिवचे ना. 'बार आनी रेस्टॉरंट' म्हणून परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांच्या मालकांनी दुकानांत 'सोरो दिवचो ना आनी रेस्टॉरंट फकत जेवण दिवपा खातीर उक्तें आसा' अशें स्पश्टपणान बरयल्लें बोर्ड लावचें अशे निर्देश आसा

सुभाष

गोवा मराठी अकादमी आनी रविंद्र भवन साखळी हांणी जोडपालवान  जावपी 'सृजनसंगम २०२६' ह्या युवा महोत्सवाची कार्यावळ जाहीर जाल्या. ५ जान□री २०२६ दीसा जावपी ह्या युवा महोत्सवात वांट□र जावपाक उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी आनी महाविद्यालयांनी आपल□ंगड तयार दवरच□शि□ २० डिसेंबर म□नांव नोंदणी करची  अशें आवाहन गोवा मराठी अकादमीन क□ां. गीत , नृत्य, नाट्य , काव्य , व□भूषा , रांगोळी , भित्तीपत्रक अश्या साबार कला प्रकारांत वांटो घ□ाक आपल्या शाळा - महाविद्यालयाच्या प्राचार्या मार्फत गुगल फॉर्म भरचो अशें ह्या विशींच्या खबरेंत म्हळां. सृजन संगम महोत्सवाविशीं चड म्हायती खातीर गोवा मराठी अकादमी कड□संपर्क सादचो अशें अध्यक्ष प्रा. अनिल सामंत हांणी कळीत क□ां.

DIP 60

19 डिसेंबर  सावन गोंयचे राजभवन हे गोंयचे "लोकभवन" म्हूण नामकरण जातले. देशभरातल्या राजभवनांचे अशें नामकरण करतले. गोंय मुक्ती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगा  वेलार  हे नामकरण जाता. "लोकभवन" म्हळ्यार लोकांचे

घर, जे पारदर्शकता, समावेशकता आनी गोंयच्या नागरिकांच्या सेवेतल्या सरकारच्या स्थिर समर्पणाचे प्रतिक जावन आसा. लोकभवन हे लोकसेवेच्या वचनबद्दतेचे प्रतिनिधित्व करता, ज्या संस्थेविशीं प्रत्येक नागरिकाच्या मनात आपलेपणाची भावना आसा. लोकभवन खरेंपणी लोकांखातीर, लोकांबरोबर आनी लोकांच्या सेवे खातीर काम करता.

DIP

गोंय मुक्ती दिसाच्या आदल्या दिसा म्हण्ल्यार  आयज गोंयच्या राजभवनांत रक्तदान शिबिर आयोजीत केलें. गोंय वैजकी म्हाविद्यालय, गोंय विद्यापीठ रक्त केंद्र आनी भारतीय रॅड क्रॉस सोसायटी हांच्या जोड पालवान हें शिबिर आयोजीत केल्लें. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हानी  स्वयंसेवी रक्त दात्यां कडेन संवाद सादलो आनी समाजा खातीर केल्ल्या निस्वार्थी सेवे खातीर तांकां परबीं दिली. ह्या शिबिरांत वट्ट ८२ युनिट रगत एकठांय केलें. गरजेवंत दुयेंतींक वेळार रगत मेळचें हे खातीर नेमान अशे रक्त दान शिबिरां घडोवन हाडप म्हत्वाचें हाचेर  राज्यपालांनी भर दिलो. तशेंच कार्यावळीच्या येसस्वी आयोजना खातीर सगळ्या आयोजक संस्थांची आनी संबंधितांची  तांणी तोखणाय केली.

DIP

19 डिसेंबराक  गोंय मुक्ती दिसा निमतान जावपी राज्य पांवड्यावेल्या मुक्ती दिसाच्या कार्यावळींत मुख्यमंत्री उजो पालोवपी दळ पदक (विशिश्ट आनी शूर सेवे खातीर), मुख्यमंत्री पुलीस (भांगरा) पदक (विशिश्ट सेवे खातीर) आनी मुख्यमंत्री गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण पदक (विशिश्ट सेवे खातीर)भेटयतले. विशिश्ट सेवे खातीर मुख्यमंत्री उजो पालोवपी सेवा पदक पणजेचे स्टेशन उजो पालोवपी अधिकारी निलेश फर्नांडीस, उजो पालोवपी दळ फोंडाचे उजो पालोवपी अनीकेत अनंत आमोणकार आनी पणजेचे मुखेल उजो पालोवपी जंगा आर गोहर हांकां दितले. गोंयच्या मुख्यमंत्र्याचें शौर्य सेवे खातीर उजो पालोवपी सेवेचें पदक अविनाश गांवकार, फोंडा, हांकां दितले. तशेंच विशिष्ट सेवे खातीर मुख्यमंत्री पुलीस (भांगरा) पदक उपअधीक्षक सागर एकोस्कर, आणि  राजेश कुमार, बायल

पुलीस निरिक्षक सुदीक्षा नायक, सहाय्यक उपनिरीक्षक सुभाष मालवणकर, मुखेल हवालदार भालचंद्र सावंत आणि मेलविन डायस, पुलीस हवालदार-अमरदीप चौधरी, होमगार्ड आनी नागरी संरक्षणचे  रामा कांबली, बायलां होमगार्ड स्वयंसेवक, विद्या.तलवार, नागरी संरक्षण वार्डन रुपेश  पर्वतक, एड.हर्षा नाईक, पणजी हांका पुरस्कार फाव जाला.

सुशांत

दक्षिण गोंयांतल्या बेतूल हांगा आशिल्ल्या ओएनजीसी प्रकल्पात उबारिल्ल्या एका तात्पुरत्या शेडीक उजो लागपाची घडणूक दनपरां घडली.. मात उजो पालोवपी दळान हो उजो रोखडोच आटापा हाडिल्ल्यान कसलेच व्हड लुकसाण जावंक ना अशी म्हायती कुंकळ्ळीच्या उजो पालोवपी दळाच्या सुत्रान दिली.ओएनजीसी हांगा इंडिया एनर्जी व्हीक ह्या सुवाळ्याचे आयोजन जावपाचे आसा. ताचे तयारीखातीर ही शेड उबारपाचे काम चालू आशिल्ले. हे शेडीक वेल्डींग करताना उज्याचे कीट उसळिल्ल्यान पेट घेतलो अशी म्हायती आसा.

DIP

कला आनी संस्कृती संचालनालय, अस्तंत विभाग सांस्कृतीक केंद्र उदयपूर हांणी दर्या संगम, कला अकादेमी, हांगा वर्सुकी राष्ट्रीय लोक महोत्सव "लोकोत्सव 2026" घडोवन हाडतले. लोकोत्सव महोत्सव 2026 खातीर हस्तकला कारागीर हस्तकला,  हातमाग, पारंपारीक अलंकार आदी उत्पादन मांडपाक इत्सुक गोयचे कारागिरा कडच्यान अर्ज मागयल्या.

स्पोर्ट्स

बॅडमिंटनात भारताच्या सात्विक साईराज रंकीरेड्डी आणि चिराग शेट्टी या दादल्या दोट्टी  जोडीचो  आज इंडोनेशियाच्या फजर अल्फियान आणि मुहम्मद शोहिबुल फिक्री हांचे आड खेळता

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 20.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.